पणजी राष्ट्रीय खबरो ०९.०९.२०२६ @ ८.४० am राजश्री कामत

- प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदींनी गुजरातात ३५,००० कोटी रुपयांचे प्रकल्प देशाक समर्पित केले
- भारतीय यूपीआय आता अकरा देशांनी कार्यरत आसा अशे सांगुन प्रेधन मंत्री नरेंद्र मोदीनी भर दिला की, रेमिटन्सच्या व्यवहाराचो खर्च कमी करपाक फिनटेक प्रणालीं मदी जागतिक सहकार्य हे नवीन ध्येय आसुक जाय
- केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी आयज गोंयांत 'परवरी एलिव्हेटेड कॉरिडोर' चे उक्तावण करतले.
- आयज अहमदाबादांत चालू आशिल्ल्या 'वर्ल्ड आर्चरी पॅरा सिरिज' सर्तींत भारतीय पॅरा तिरंदाज वेगवेगळ्या सर्तींनी भांगरा आनी कांस्य पदकां खातीर झुज्तले
- नैऋत्य मोसमी वाऱ्यांचो हंगामी परतीचो प्रवास सुरू जाव्पा आदी भारतांत पावसाच्या हालचालींचे एक निमाणी ल्हार येवंक शकता अशे भारतीय वेधशाळेन म्हणला

मोदी

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदींनी गुजरातात ३५,००० कोटी रुपयांचे प्रकल्प देशाला समर्पित केले; मालवाहू आणि प्रवासी रेल्वे सेवांक पाचवा बावटो दाखयलो.'चिप्स'पासून ते 'शिप्स'मेरेन भारत आता उत्पादनाच्या क्षेत्रात एक नवीन भविष्य घडयता अशे सांगुन, देशांतर्गतच एक पुराय आणि आत्मनिर्भर पुरवण साखळी उभारतात जातुन हाय-टेक इलेक्ट्रॉनिक्सपासून ते व्हड दर्या जहाजांच्या निर्मितीमेरेनच्या क्षेत्रांचो आसपाव आसा अशे तांणी सांगले. वडोदरात ३५ हजार कोटी रुपयां परस अधिक किमतीचे वेगवेगळे विकास प्रकल्प देशा क समर्पित केले.

'प्रधान मंत्री मोदींनी देशाच्या परिवहन आणि लॉजिस्टिक्स क्षेत्रातल्या जलद परिवर्तनाचेर उजवाड घालो. २,८०० किलोमीटरपरस चड लांबीचे 'डेडिकेटेड फ्रेट कॉरिडॉर' पूराय जावप ही २१ व्या शेकड्यातल्या भारता खातीर  एक ईतिहासिक कामगिरी आणि देशाच्या बदलत्या कार्यसंस्कृतीचो पुरावा असल्याचे त्यांनी नमूद केले.  सौर, अणु आणि पवन ऊर्जा क्षेत्रांमदी सरकार दिता    आशिल्लो भर भारताचे तरणाटे पळयतात अशे ताणी सांगले. तंत्रज्ञानाच्या फुडाराचेर भर दिताना तांणी सांगले की, 'आर्टिफिशियल इंटेलिजन्स'  सारखे आगामी उद्योग पूरायपणान ऊर्जेर चलपी आसतले

यूपीआय

नावीन्य आणि सर्वसमावेशकता हाका केंद्रस्थानार दवरून भारतान फिनटेकचो प्रवास नव्या उंचायेर व्हेला अशे प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणाले.  एजेंटिक एआय, टोकनायझेशन आणि क्वांटम यांसारखी तंत्रज्ञानं वित्तीय क्षेत्रात नवीन शक्यता निर्माण करतात अशे मुंबईत आयोजित ग्लोबल फिनटेक फेस्टच्या सातव्या आवृत्तीत उलयताना ताणी म्हळे. ताणी यूपीआयक फिनटेकचो चॅम्पियन म्हणून भौमान केलो आणि नमूद केले की, गेल्या महिन्यात दोन हजार चारशे कोटीं परस अधिक यूपीआय व्यवहारांची नोंद झाली. भारतीय यूपीआय आता अकरा देशांनी कार्यरत आसा अशे सांगुन मोदींनी भर दिला की, रेमिटन्सच्या व्यवहाराचा खर्च कमी करपाक  फिनटेक प्रणालीं  मदी जागतिक सहकार्य हे नवीन ध्येय आसुक जाय ताणी फिनटेक कंपन्यांक उच्च दर्जाची सायबर सुरक्षा, नैतिक डेटा निर्मिती मानकां एक मजबूत फिनटेक-नियमित उद्योग नावीन्यपूर्ण परिसंस्था आणि फिनटेक संरक्षण ग्राहक निर्देशांक तयार करपाचे आवाहनय केले. तंत्रगिन्यानाच्या  माध्यमांतल्यान सशक्तीकरणाचें मुखेल तत्वगिन्यान परत सांगतना प्रधानमंत्री हांणी सांगलें की यूपीआय हें अर्थीक समावेश करपा खातीर एक व्हड साधन; पारंपारीक बँकींग मॉडेलांनी दुर्लक्ष केल्ल्या वाठारांनी ही पद्दत येसस्वीपणान पावल्या आनी ताचो परिणाम जाला. फकत ऑगस्ट म्हयन्यांत 24 अब्ज वयर यूपीआय वेव्हार जाल्ल्याची नोंद प्रधानमंत्र्यांनी केली.

गडकरी

केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी आयज गोंयांत 'परवरी एलिव्हेटेड कॉरिडोर' चे उक्तावण करतले. राष्ट्रीय म्हामार्ग-66 (एनएच-66) चेर स पदरी आनी पांच किलोमीटरां वयर लांबायेचो हो प्रकल्प सुमार 641 कोटी रुपया खर्च करून बांदला. ताका लागून येरादारी सुलभ जातली आनी राजधानी पणजी आनी राज्याच्या उत्तर भागांत संपर्क वेवस्था सुदारतली  अशी अपेक्षा आसा. 11 सप्टेंबर सावन हो कॉरिडोर नियमित  येरादारी खातीर उक्तो जातलो. ह्या मार्गाचेर दर दिसा सुमार 75 ते 80 हजार वाहनां चलतली, जाका लागून सद्याच्या जमनीवयल्या रस्त्यांवेलो येरादारीचो ताण सुमार 60 टक्क्यांनी उणो जातलो अशी अपेक्षा आसा. वर्दळीच्या म्हापसा-पणजी मार्गाचेर येरादारीची गर्दी उणी करप हो प्रकल्पाचो हेत आसा. ह्या म्हत्वाच्या मार्गावेल्यान  पर्यटक आनी व्यावसायिक वाहनांची येरादारी सुवीधा  सुलभ जातली अशीय अपेक्षा आसा.

राजनाथ

संकश्टाच्या वेळार भारत सदांच श्रीलंकेच्या फाटी उबो रावतलो  अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी सांगलां; दोनूय देशांचो संबंद हे सामायिक इतिहास, संस्कृताय आनी श्रध्देचेर आदारिल्लो आसा हाचेर तांणी भारतीय समाजा कडेन संवाद सादतना भर दिलो. ते  काल आपल्या पयल्या तीन दिसांच्या भेटींत श्रीलंकेच्या वरिश्ठ फुडारपणा कडेन उलोवणी करपा खातीर कोलंबो पावले. दोनूय देशांचे संस्कृतीक आनी सभ्यताविषयचे लागींचे संबंद आसात, ताका लागून द्विपक्षीय संबंद उदरगती खातीर घट्ट बुन्याद घाल्या अशें तांणी सांगलें.

उत्तर प्रदेश

उत्तर प्रदेश सरकारान आंगनवाडी सेविका आणि मदतनीस हांचे  मानधन वाडयलां. हे संबंदी राज्य सरकारान आदेश जारी केला.

ह्या आदेशा प्रमाण आंगनवाडी कामगारांच्या मानधनांत राज्याचो वाटो दर म्हयन्याक चार हजार रुपया वाडयला आनी मदतगारांच्या मानधनांत राज्याचो वाटो म्हयन्याक 2 हजार रुपया वाडयला. हे दुरुस्ती उपरांत आंगनबाडी कामगारांक म्हयन्याक वट्ट 12 हजार रुपया मानधन मेळटलें, जाल्यार मदतनीसक म्हयन्याक वट्ट 6 हजार रुपया मानधन मेळटलें.

नौदल

नौदलाचे मुखेली एडमिरल कृष्ण स्वामीनाथन आयच्यान ऑस्ट्रेलिया आनी न्यूझीलंडाच्या अधिकृत भेटीचेर आसात. हे भेटी वेळार एडमिरल स्वामीनाथन रॉयल ऑस्ट्रेलियन नेव्हीच्या वरिश्ठ फुडार्‍यां कडेन द्विपक्षीय उलोवणी करतले आनी ऑस्ट्रेलियन संरक्षण अधिकार्‍यां कडेन संवाद सादतले. थंयच्या मुखेल कार्यकारी आनी प्रशिक्षण केंद्रांक भेट दिवपा वांगडाच रॉयल न्यूझीलंड नौदलाच्या कर्मचार्‍यां कडेन आनी वेवसायीक लश्करी शिक्षण घेवपी अधिकार्‍यां कडेनय ते संवाद सादतले.

कुवेत

भारत आनी कुवेत हांणी वेगवेगळ्या मळार आपली धोरणात्मक भागीदारी आनीक घटमूट करपाक मान्यताय दिल्या. दोनूय देशां मदीं परराश्ट्र कार्यालयीन सल्लामसलतची आठवी फेरी काल कुवेतांत जाली. परराश्ट्र मंत्रालयांतले अतिरिक्त सचीव असीम महाजन आनी कुवेतांतल्या परराश्ट्र मंत्रालयांतले आशियाई वेव्हार सहाय्यक परराश्ट्र मंत्री नवाफ अब्दुल्लातीफ सुलेमान अल अहमद हांणी हे बसकेचे सह-अध्यक्षपण केलें. हे बसकेंत राजकी संबंद, वेपार, गुंतवणूक, संरक्षण, सुरक्षा, उर्जा, तंत्रगिन्यान, शेती, भलायकी, संस्कृताय आनी जनसंपर्क अशा वेगवेगळ्या मळार रणनिती भागीदारी आनीक घटमूट करपाचे मार्गांचेर दोनूय वटांनी चर्चा केली. तशेंच सहकार्याच्या संयुक्त आयोगाच्या यंत्रणे खाला संयुक्त कार्यपंगडांच्या बसकांचे प्रगतीचो नियाळ घेतलो.

परराश्ट्र मंत्रालयाच्या सल्लागाराची फुडली फेरी परस्पर सोयीचे तारखे प्रामान नवी दिल्लींत करपाक दोनूय देशांनी मान्यताय दिल्या अशें परराश्ट्र मंत्रालयान सांगलां.

PMML

प्रधानमंत्री संग्रहालय आनी ग्रंथालय PMMLच्या खाला आशिल्ल्या नव्यान तयार केल्ल्या नेहरू प्लॅनेटॅरियमाची एक मुखेल आऊटरीच सुविधेचे काल नवी दिल्लींत उक्तावण जालें. विज्ञान प्रसार घटमूट करप, खगोलशास्त्रा विशीं जागृताय निर्माण करप आनी लोकांचो सहभाग वाडोवप हो आधुनीक सुविधेचो हेत आसा.उक्तावण सुवाळ्याचे अध्यक्षपदार PMMLचे अध्यक्ष नृपेंद्र मिश्रा आशील्ले ह्या वेळार उलयतना PMMLचे संचालक अश्वनी लोहानी हांणी सांगलें, नेहरू प्लॅनेटॅरियम देशांतलें एक प्रिमियर प्लॅनेटॅरियम म्हणून उदेलां; विद्यार्थी, तरणाटे आनी सामान्य लोकां मदीं शास्त्रीय वृत्ती निर्माण करपाक आनी जिज्ञासा जागृत करपाक अत्याधुनीक सुविधांनी सज्ज केल्या.

पोशण

केंद्रीय बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्रालय आयज वाराणसींत 'नववो राष्ट्रीय पोशण म्हयनो 2026' सुरू करतले. केंद्रीय बायलां आनी बाल विकास मंत्री अन्नपूर्णा देवी मुख्यमंत्री योगी आदित्यनाथ हांच्या हाजिरेंत 'रुद्राक्ष अधिवेशन केंद्र' हांगा ही मोहीम सुरू करतली. ही मोहीम सप्टेंबर म्हयनोभर देशभरांतल्या आंगनवाडी, शाळा, पंचायती आनी घरांनी लोकांच्या सहभागान चालीक लायतली. अंदूं राष्ट्रीय पोशण म्हयन्याचो विशय 'आमच्यो आंगनवाडी, आमची जापसालदारकी' असो आसा.

स्पोर्ट्स

आयज अहमदाबादांत चालू आशिल्ल्या 'वर्ल्ड आर्चरी पॅरा सिरिज' सर्तींत भारतीय पॅरा तिरंदाज वेगवेगळ्या सर्तींनी भांगरा आनी कांस्य पदकां खातीर झुज्तले पॅरा रिकर्व्ह मिश्र सांघिक भांगरा पदकाच्या खेळात भारताची भावना आनी हरविंदर सिंग, चीनाचो लिआंग किउरोंग आनी झीया लेई हांचे आड खेळतले.

तशेंच भारताची शीतल देवी 'पॅरा कंपाऊंड बायला वैयक्तिक' अंतिम फेरयेत कझाकस्तानाची आयझाडा सेइडन हांचे आड खेळतली

वेदर

नैॠत्य मोसमी वाऱ्यांचो हंगामी परतीचो प्रवास सुरू जाव्पा आदी भारतांत पावसाच्या हालचालींचे एक निमाणी ल्हार येवंक शकता. मध्य, दक्षिण, उदेंत आनी अस्तंत भारतांतल्या वाठारांनी 12 ते 21 सप्टेंबर ह्या काळांत परतून पावस पडपाची शक्यताय आसा. जाका लागून सप्टेंबराच्या दुसऱ्या अर्दांत देशांतल्या जायत्या वाठारांनी पावस आनी विजांच्या कडकडाटासयत पावस येवंक शकता. मजगती भारतीय हवामान खात्यान आयज बिहार, झारखंड, गंगेटिक अस्तंत बंगाल, ओडिशा, अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोरम आनी त्रिपुरा हांगा व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला. तशेंच अंडमान आनी निकोबार जुंवे, आंध्र प्रदेश, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांचेर वीज आनी वादळी वारें सयत गडगड मारपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण आयज दर्यादेग आंध्र प्रदेशांत तशेंच केरळम आनी माहे हांगा उश्ण आनी दमट हवामानाची शक्यताय आसा.